# PAPER-III
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ____________________________
   (Name) ____________________________
2. (Signature) ____________________________
   (Name) ____________________________

| J | 8 | 5 | 1 | 3 |
|---|---|---|---|---|

OMR Sheet No. : ..............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.____________________________________
(In words)

Time : 2 $^1/_2$ hours] [Maximum Marks : **150**

Number of Pages in this Booklet : **12**

Number of Questions in this Booklet : **75**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of seventy five multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal / polythene bag on the booklet. Do not accept a booklet without sticker-seal / without polythene bag and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are however, allowed to carry duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचहत्तर बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए पुस्तिका पर लगी कागज की सील / पोलिथीन बैग को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील / बिना पोलिथीन बैग की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण** : Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पुस्तिका के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।**

# कोंकणी

## प्रश्नपत्र – III

**सुचोवणी :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत **वट्ट पाऊणशे (75)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो दिंवच्यो.
(iii) दर एका प्रस्नांचे सारके जापेक **दोन (2)** गूण दवरल्यात.
(iv) दर एका प्रस्नाची जाप ताजे सकयल दिल्ल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षराचेर कुरु करुन दिंवची.

**1.** 'भारतीय साहित्य विचार' हे भारतीय साहित्यशास्त्रावेले पुस्तक कोंकणी भाशेत हांतूतल्या कोणे बरयलां ?
(A) प्रियदर्शिनी तडकोडकार
(B) श्री शं. फडके
(C) किरण बुडकुले
(D) मनोहरराय सरदेसाय

**2.** 'निरुक्त' हो ग्रंथ ________ हाणी बरयलो.
(A) सायणाचार्य
(B) यास्काचार्य
(C) वेदव्यास
(D) जैमिनी

**3.** अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचे 28वें अधिवेशन मुंबय कैन्ना जाले ?
(A) 17, 18, 19 मार्च 2012
(B) 17, 18, 19 जाने 2012
(C) 17, 18, 19 एप्रिल 2012
(D) 17, 18, 19 फेब्रु. 2012

**4.** सकयल दिल्लो खंयचो ग्रंथ उपनिषदाचो ग्रंथ न्हय ?
(A) कठ (B) मुंडक
(C) बृहदारण्यक (D) ब्रृहत्कथा

**5.** 'आत्म्याचें संगीत' हें पुस्तक साहित्याच्या खंयच्या प्रकारांत मोडटा ?
(A) कथा (B) निबंद
(C) लघुनिबंद (D) आत्मचरित्र

**6.** भाशेचें व्हडलें बळगें म्हळ्यार ________
(A) भाशेंतल्या उतरांक अभिधेची जोड दिवपाची तिची तांक
(B) भाशेंतल्या उतरांक व्यंजनेची जोड दिवपाची तिची तांक
(C) भाशेंतल्या उतरांक लक्षणेची जोड दिवपाची तिची तांक
(D) भाशेंतल्या उतरांक अभिधेचे जोड्येक लक्षणा आनी व्यंजना दिवपाची तिची तांक

**7.** भास आनी भाशेकूळ हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. मणिपुरी | अ. तिबेटो बर्मन |
| 2. नेपाळी | ब. भारतीय आर्य |
| 3. तुळू | क. मॉ ख्मॅर |
| 4. संथाली | ड. द्रविडी |
| | ण. मुंडा |

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | अ | ब | ड | ण |
| (B) | ब | अ | ण | क |
| (C) | ड | अ | ब | ड |
| (D) | अ | क | ब | ण |

**8.** 'अेक जुंवो जियेता' ही एकांकी कोणाची ?
(A) श्रीधर कामत
(B) तुकाराम रामा शेट
(C) हनुमंत चोपडेकार
(D) जे.एल. गोयश

**9.** ‘समकालीन कोंकणी लघुकथा’ ह्या संपादनात आस्पाविल्ली ‘एडविन जे.एफ डिसौझा’ हांची कथा हांतूतली खंयची ?

(A) ‘आंगोस्तर’

(B) ‘मोर्डे मोर्तो’

(C) ‘दिर्वे’

(D) ‘आराट्ट’

**10.** सकयल दिल्ली कोंकणीतली उतरां मूळ खंयच्या भाशेंतल्यान आयल्यात तें वळखून फावो त्यो जोड्यो लायात

1. कदेल — अ. कन्नड
2. कृपाळु — ब. फारसी
3. उमेद — क. इंग्लिश
4. मसालो — ड. पुर्तुगेज

ण. अरबी

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | अ | ड | क | ण |
| (B) | क | ब | अ | ड |
| (C) | ड | अ | ब | ण |
| (D) | ब | ण | क | अ |

**11.** हांतूतलें खंयचें पुस्तक प्रकाश वजरीकर हांचें आसा ?

(A) गिरमीट

(B) वज्राघात

(C) मनमोतयां

(D) जोरगत

**12.** नागेश करमली हांच्या ________ ह्या कविता-झेल्याक साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला.

(A) ‘थांग अथांग’

(B) ‘सांवार’

(C) ‘जोरगत’

(D) ‘वंशकुळाचें देणें’

**13.** सकयल दिल्ले निबंद आनी बरोवपी हांच्यो जोड्यो लायात.

1. कासवाचें कट्टें — अ. लक्ष्मणराव सरदेसाय
2. भगत — ब. शंकर भांडारी
3. पुस्पहार — क. रामचंद्र नारायण नायक
4. सुशिक्षीत न्हवरे पावणेर — ड. रवीन्द्र केळेकार

ण. बाकीबाब बोरकार

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ब | अ | ण | ड |
| (B) | ण | अ | क | ब |
| (C) | ड | क | ण | अ |
| (D) | ण | ब | अ | क |

**14.** 1780 वर्सा देवविद्येची आनी तत्वविद्येची ‘शास्त्री’ ही पदवी कोणांक मेळ्ळी ?

(A) मिगेल द आल्मेयदा

(B) आबे फारीय

(C) सांत आंतोन

(D) जुयांव द पेद्रोजा

**15.** पाश्चात्य स्वच्छंदतावादात जर्मन दर्शन तशेंच आलोचना स्त्रोताविशीं खोलायेन चिंतन कोणे केलें ?

(A) रिचर्ड्स

(B) इलियट

(C) मॅथ्यू आर्नल्ड

(D) कॉलरिज

**16.** सकयल दिल्लीं विधानां आनी कादंबरी हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

1. तागेलो व्हडलो चेडो
खंय लग्नाचो आसा
अंदू खंय ताका
करतात लग्न.
भावोजीनच वचून
त्या महादेवदादागेर
विचार्ल्लें. — अ. गुणाजी

2. आज्या, हांव
आंगणांत रावतां.
इमान वयल्यान
वयतकूच हात
दाखयतां. तुवूंय
दाखय — ब. भोगदंड

3. अशें म्हणप सोपें,
इंगलो हातार धेवन तें
फूल मानलें म्हणून
फोड येवचो उरता ? — क. गांठवल

4. हालींच वचून
येयिल्लें न्हूं गो, तूं...
चार-चार दिसांनी
मामागेर कित्याक
वयता गो... — ड. उबंतर

ण. श्रीनिवास

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | अ | ब | ड | ण |
| (B) | क | अ | ण | ड |
| (C) | ण | अ | ड | क |
| (D) | ड | क | ण | अ |

**17.** हांतूतली खंयची साहित्यकृती एकांकीझेलो तें वळखात

(A) चौरंग

(B) पिंपळ पेटला

(C) दायज

(D) मुक्तताय

**18.** हें बरय, तें छाप
हें टायप तें टायप
टक, टक, झर, झर
कागदांचे जाले दोंगर
.........................
.........................

वयर दिल्ल्या कवितेच्या कडव्यातल्यो निमण्यो वळी हांतूतल्यो खंयच्यो ?

(A) पोख्या पाटार नवो मानाय ही लोकशाय

(B) कितली ताजी पिराय ही लोकशाय

(C) वझऱ्यांनी ओत्ता शाय ही लोकशाय

(D) म्हाका बाबा कळना काय ही लोकशाय

**19.** 'लोकरंग' हें पुस्तक जयंती नायक हांणी कोंणाक ओंपला ?

(A) बाकीबाब बोरकार

(B) शाम वेरेंकार

(C) मनोहरराय सरदेसाय

(D) रवीन्द्र केळेकार

**20.** सकयल दिल्या ध्वनीं चो प्रकार वळखात.
"ट् , ठ् , ड् , ण्"

(A) दन्त्य

(B) महाप्राण

(C) मूर्धन्य

(D) तालव्य

**21.** 'हेमा नायक' हांणी केल्ल्या 'अप्रूप' ह्या संपादनाचो साहित्यप्रकार खंयचो ?

(A) लोकगीत झेलो

(B) निबंद झेलो

(C) कथा झेलो

(D) कविता झेलो

**22.** हांतूतलो खंयचो एकांकी झेलो डॉ. विनय सुर्लकार हांचो आसा ?

(A) दोन आनी दोन

(B) खांवचीं पानां

(C) देवचार

(D) साळकांतलो जादूगार

**23.** सकयल दिल्ल्या पुस्तकांचे बरोवपी, प्रकाशनवर्स आनी शीर्शक हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | |
|---|---|---|
| (1) एक कृश्ण कळी | (अ) 2008 | (त) प्रियदर्शिनी तडकोडकार |
| (2) लोकरंग | (ब) 1999 | (थ) शशांक सीताराम |
| (3) पुंडलीक नारायण नायक साहित्य-सूची | (क) 2007 | (द) सु.म. तडकोड |
| (4) प्रस्न | (ड) 1995 | (ध) जयंती नायक |

(A) 1-अ-द, 2-क-त, 3-ड-ध, 4-ब-थ

(B) 1-क-द, 2-अ-ध, 3-ब-त, 4-ड-थ

(C) 1-ब-त, 2-अ-थ, 3-ड-ध, 4-क-द

(D) 1-क-द 2-अ-थ, 3-ब-ध, 4-ड-त

**24.** 'ऋतू' ह्या कवितेच्या नेमाळ्याचे संपादक कोण ?

(A) मनोहरराय सरदेसाय, पुंडलीक नायक

(B) यशवंत केळेकार, सुमन्त केळेकार

(C) पुंडलीक नायक, गोकुळदास प्रभु

(D) पुंडलीक नायक, भूषण भावे

**25.** 16 व्या शेंकड्यांतल्या आदिपर्वाची भास सादी, चालती आनी आकर्शक किद्याक ?

(A) रामायण महाभारत ह्या ग्रंथांचे वाचन त्या काळार घराघरांनी जाताले.

(B) ह्या पर्वांतल्यो काणयो सांगपी मनीस शिकपी आशिल्लों आनी ताचेर पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव पडूक नाशिल्ले.

(C) ह्या पर्वात काणयो सांगपाची चाल आशिल्ली.

(D) आदीपर्व हें लोकवेदाचे एक रूप आशिल्ले.

**26.** 'रौद्र' ह्या रसाचो स्थायीभाव खंयचो ?

(A) रति

(B) क्रोध

(C) जुगुत्सा

(D) उत्साह

**27.** गिरीश कर्नाड हांच्या 'हयवदन' नाटकाचो अणकार कोणे केला ?

(A) डॉ. अनंत राम भट

(B) प्रकाश थळी

(C) ऑलिव्हीन्यु गोमिश

(D) रमेश वेळुस्कार

**28.** प्रसाद, कांती हे साहित्यातले ________

(A) रस आसात. तांकां लागून साहित्यात रसपरिपोष जाता.

(B) अलंकार आसात. तांका लागून साहित्याची भास अलंकारीक जाता.

(C) शब्दशक्ती आसा. तांकां लागून साहित्याची भास अर्थानुकूल जाता.

(D) गूण आसात. तांकां लागून साहित्याची आंतरिक सोब वाडटा.

**29.** हांतूतले विरह-गीत खंयचें ?

(A) धालो

(B) देखणी

(C) मांडो

(D) दुल्पद

**30.** 'कांदिद' ह्या कोंकणीत अणकारीत केल्ल्या पुस्तकाची मूळ भास खंयची ?

(A) इंग्लिश

(B) फ्रांसेज (फ्रेंच)

(C) कन्नड

(D) पोर्तुगेज

**31.** हांतूतली खंयची रचना 'गोवा कोंकणी अकादेमीन' प्रकाशित करुक ना.

(A) पेडणेचो दसरो

(B) कोंकणी मंदाकिनी

(C) कोंकणीची उतरावळ तिजी जोडणूक आनि घडणूक

(D) कोंकणी समीक्षणाची परिभाशिक उतरावळ

**32.** उजवाडणीच्या वर्साप्रमाण सकयल दिल्ल्या पुस्तकांचो क्रम लायात.

(A) जायात जागे, आयज रे धोलार पडली बडी, अठरा जून, गोंया तुज्या मोगाखातीर
(B) आयज रे धोलार पडली बडी, अठरा जून, जायात जागे, गोंया तुज्या मोगाखातीर
(C) गोंया तुज्या मोगाखातीर, अठरा जून, आयज रे धोलार पडली बडी, जायात जागे
(D) गोंया तुज्या मोगाखातीर, आयज रे धोलार पडली बडी, जायात जागे, अठरा जून

**33.** सकयल दिल्ली विधानां शणै गोंयबाब हांच्या खंयच्या रचनेंतली आसात ? तांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. दुतान केंच करुन आंगार येवन म्हलें, 'खबरदार तशें म्हणशी जाल्यार, तुजी जिबली तोडून काडीन. देवाच्या चुकींचो अनर्थ ? देव इल्लीय चूक करिना.' | अ. संवसार बुट्टी |
| 2. कसलेंय जायना तू फूल. हांव आपलो तुका दसवंतिचें फूल म्हण्टालो तें म्हजें चड वळखिचें फूल. केन्नापासून फुलूंक लागलें गो तूं ? | ब. वासुशणैली पोपाय |
| 3. सदीं उठून तेच ते भावनेंत गुल्ल जावन, निमाणे तिच्याच उगडासान जो आपणाले कळिंवर सोट्टा तो तिकाच वचून मेळटा | क. बाबुमामालो पणस |
| 4. तुगेलो आजो कुटुमाम हयाच मांगरांत बसून आडवेळचें भारत वाचतालो. | ड. मोगाचें लग्न |
| | ण. म्हजी बा खैं गेली |

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ब | अ | ड | ण |
| (B) | अ | ड | ण | क |
| (C) | ड | ब | क | अ |
| (D) | ण | अ | ड | ण |

**34.** हांतूतलो खंयचो एकांकीझेलो डॉ. विनय सुर्लकार हाणी बरयला ?

(A) दोन आनी दोन
(B) खांवची पानां
(C) देंवचार
(D) साळकांतलो जादूगर

**35.** एदुआर्द ब्रुन द सौझाच्या साहित्यकृतींचो योग्य क्रम सांगात.

(A) सर्गाचो ठेवो, क्रिस्तांव घराबो, ख्रिस्तांवाची दोतोर्न गोंयचे भाशेंत, एव आनी मरी.
(B) क्रिस्तांव घराबो, ख्रिस्तांवाची दोतोर्न गोंयचे भाशेत, एव आनी मरी, सर्गाचो ठेवो.
(C) ख्रिस्तांवाची दोतोर्न गोंयचे भाशेंत, एव आनी मरी, क्रिस्तांव घराबो, सर्गाचो ठेवो.
(D) एव आनी मरी, क्रिस्तांव घराबो, सर्गाचो ठेवो, ख्रिस्तांवाची दोतोर्न गोंयचे भाशेंत.

**36.** _________ हे इंग्लिशींत, कोंकणीचें व्याकरण रचयी केरळांतले व्याकरणकार आसात.

(A) के. अनंत भट
(B) पी.जी. जनार्दन
(C) पी.जी. कामत
(D) पय्यनूर रमेश पै

**37.** 'कर्णपर्व' नाटक हांतूतल्या कोणे बरयलां ?

(A) पुंडलीक नायक
(B) उदय भेंब्रे
(C) प्रकाश थळी
(D) वसंत भगवंत सावंत

**38.** 'कोंकणी ही आर्यवर्गी भास देखून कोंकणीखातीर देवनागरी लिपी उपेगांत हाडूं येत' अशें म्हळे ?

(A) नागेश सौंदे

(B) पाद्री दियेगु रिबैरो

(C) श्रीपाद देसाय

(D) मो. दाल्गाद

**39.** 'कोंकणी ही आपणाली आवयभास हाचो दिश्टावो कोंकणी वाकरप्याक जालो.' कारण ________

(A) कोंकणी भाशेची तांक तांकां कळली.

(B) 'कुंञ्ज रिवाराच्या' निबंदाचो परिणाम फुडाराच्या कोंकणी वाकरप्यांचेर जालो.

(C) कोंकणी प्रजेचो आवाज ही संघटना वावुरप्याक उमेद दिताली.

(D) पाद्री दियोगु रिबैर हाणी कोंकणी शब्दकोश बरयलो.

**40.** 'लोकधर्मी' आनी 'नाट्यधर्मी' ही संकल्पना हांतूतल्या कोणे मांडली ?

(A) मम्मट

(B) अभिनव गुप्त

(C) आनंदवर्धन

(D) भरतमुनी

**41.** हांतूतले खंयचे वाक्य बरोबर आसा ?

(A) पुर्तुगेज गोंयाभायर गेल्या उपरांत पुर्तुगेजीचे सुवातेर इंग्लिश उतरां कोंकणी भाशेत धोळूंक लागलीं.

(B) कोंकणी भाशेंत खूपशें संतकाव्य जल्माक आयलें.

(C) मंगळुरी कोंकणी भास देवनागरीत चड बरयताले.

(D) साबार कोंकणी बरोवपी आपले बरप सुरवेक रोमी लिपयेंत करताले.

**42.** अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाची वर्सां आनी थळ हांच्यो जोड्यो लायात.

1. 1979 — अ. श्री दामोदर विद्याभुवन, मडगांव
2. 1985 — ब. सुभाषचंद्र प्रभु नगर, कोची
3. 1992 — क. दादा वैद्य नगर, रामनाथी
4. 1996 — ड. गोमंत विद्या निकेतन, मडगांव

ण. माधव मंजुनाथ शानभाग नगर, कारवार

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ड | क | अ | ब |
| (B) | ब | अ | ण | ड |
| (C) | ण | ब | अ | क |
| (D) | ड | क | ण | ब |

**43.** 'चित्रांगदा बिदाय-अभिशाप' ह्या अणकारीत नाटकांचो मूळ रचनाकार कोण ?

(A) कालिदास

(B) रवींद्रनाथ टागोर

(C) बंकीमचंद्र चतर्जी

(D) गिरीश कर्नाड

**44.** 'रसास्वाद हो एकतरेचो साक्षात्कार' असो रसाविशयींचो सिद्धान्त हांतूतल्या खंयच्या संस्कृत साहित्यशास्त्रकारान मांडला ?

(A) लोल्लट

(B) शंकुक

(C) भट्टनायक

(D) वामन

**45.** हांतूतले खंयचें नेमाळें मंगळूरांतल्यान उजवाडा येवपी सगळ्यांत पोरणें नेमाळें जावन आसा ?

(A) कोंकणी दिर्वे

(B) राक्णो

(C) पयणारी

(D) पंचकादय

46. 'भाशेकुल' ह्या संकल्पनेचो अभ्यास भासविज्ञानाच्या खंयच्या प्रकारात करतात ?

(A) वर्णनात्मक (B) शैली

(C) ऐतिहासिक (D) समाज

47. 'पांडुरंग भांगी' आनी एस्.एस्. नाडकर्णी हांणी खंयच्या कोशाचे मोलादीक काम केले ?

(A) कोंकणी विश्वकोश

(B) कोंकणी शब्दसागर

(C) कोंकणी अभ्यासकोश

(D) कोंकणी पोर्तुगेज कोश

48. दियागो रिबेरु हांची तुस्त इग्नासियो आर्कामोनी आनी दियागु बार्बोसा माशादो हांणी केली कारण

(A) तांणी एकट्यानच कोंकणी पुर्तुगेज शब्दकोशाची रचना केली.

(B) तांणी चडांत चड हिंदुक ख्रिस्तांव धर्मावटेन हाडले.

(C) नवक्रिस्त्यांक शिकोवपाखातीर थळाव्या भाशेंत तांणी शेखडीच कुशलताय हातासली.

(D) तांणी हेर भासांतली जायती पुस्तकां कोंकणीत अणकारून हाडली.

49. हांतुतलें खंयचें 'नेमाळे' दर पंद्रा दिसांनी उजवाडा येतालें ?

(A) 'सत्'

(B) 'नवें गोंय'

(C) 'रोटी'

(D) 'उदेंतेचे साळक'

50. 'चडत्यो, देंवत्यो अखंड भोंवड्यो पैस पैस तड धांवता वांटकुळ्या संवसाराचो हो चक्रव्यूह खंय फुट्टा ?' ह्यो वयल्यो वळी कोणाल्या कवितेतल्यो ?

(A) बयाभाव (B) सौमित्र

(C) अभिजीत (D) गोम पै

51. 'इदुली वाटुली' ही प्रस्तावना बरोवपी कोशकार कोण ?

(A) दामोदर घाणेकार

(B) तानाजी हळर्णकार

(C) श्रीपाद देसाय

(D) दाल्गाद

52. 'दोंगरावेली मनशां' हे व्यक्तिचित्रणात्मक बरपावळीचें पुस्तक कोणाचे ?

(A) शीला कोळंबकार

(B) श्री शं. फडके

(C) जयमाला दणायत

(D) दिनेश मणेरकार

53. "कवितेच्या माध्यमातल्यान जन्मासावन इतले व्यापक रीतीन पसरिल्लो दुसरो कवी आमच्या मदी ना" अशें मत मनोहरराय सरदेसाय हांच्याविशी कोणे उक्तायला ?

(A) माधव बोरकार

(B) दामोदर मावजो

(C) पुंडलीक नायक

(D) चंद्रकान्त केणी

54. एक 'स्वनीम' आपले शेजारच्या 'स्वनीमाचो' भेस आपणायता त्या प्रक्रियेक किदें म्हण्टात ?

(A) सम्मीलीनीकरण

(B) स्वनीमीकरण

(C) अधिकरण

(D) समीकरण

55. 'शिंगा दाखोवन पुजून घेतलो' अशें 'बांगर बैल' हे कवितेच्या कवीन ________

(A) कोंकणी संस्कृतायेतल्या बैलांक पुजपाच्या परंपरेक उद्देशून म्हळां.

(B) कोंकणीची नवी परंपरा निर्माण करपाक भायर सरतल्यांक उद्देशून म्हळां.

(C) शिंगा दाखयल्या बगर कोणच दारांत उबो करपाचो ना अशें मानून म्हळां.

(D) दाखोवपाक आनीक कांयच ना तेन्ना शिंगाच दाखोवंची पदटात म्हणून म्हळां.

56. कोंकणीत पाय मोडिल्लें व्यंजन दाखयतात ते कुरवेक किदें म्हण्टात ?

(A) पायमोडी (B) अनुस्वार

(C) विसर्ग (D) हलन्त

57. 'आयज भारताक एक भौभाशीक वाठार मानतात' कारण

(A) विंगड कुळांतल्या भारतीय भासांभितर आयिल्या अर्थाच्या सारकेपणांक लागून.

(B) विंगड कुळांतल्या भारतीय भासांभितर आयिल्या थळाव्या सारकेपणांक लागून.

(C) विंगड कुळांतल्या भारतीय भासांभितर आयिल्या उच्चाराच्या सारकेपणांक लागून.

(D) विंगड कुळांतल्या भारतीय भासांभितर आयिल्या वाक्यांच्या सारकेपणांक लागून.

58. कादंबरी आनी तांची लिपि हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. आंजेल | अ. मल्यालम |
| 2. पृथिवै नमः | ब. देवनागरी |
| 3. विकऱ्याचें जिवीत | क. कन्नड |
| 4. शक्तिपात | ड. रोमी |
| | ण. परसो अरेबीक |

| | 1 | 2 | 3 | 4 |
|---|---|---|---|---|
| (A) | क | अ | ड | ब |
| (B) | ण | क | ब | अ |
| (C) | ब | अ | ण | ड |
| (D) | अ | क | ड | ण |

59. उतरांक फाटल्यान कूस लागता ताका _______ म्हण्टात.

(A) प्रत्यय

(B) धातूरूप

(C) उपसर्ग

(D) कृदन्त

60. जेझ्रुयीत धर्मसंघातल्यान पयलो गोंयकार पाद्री कोण जालो ?

(A) फ्रेय गाश्पार द सां मिगेल

(B) आंद्रे वाझ

(C) सिमांव आल्वारिश

(D) पाद्री अिनाजियु आर्कामोनी

61. 'इंग्लिश व्हाय कोंकणी जाय' हें घोषवाक्य खंयच्या संस्थेन फुडें हाडले ?

(A) कोंकणी प्रजेचो आवाज

(B) अंन्त्रुजच्यो घुडयो

(C) भारतीय भाशा सुरक्षा मंच

(D) बार्देश अस्मिताय केंद्र

62. 'भूयकांप' ही एन् शिवदास हांची कथा तांच्या खंयच्या कथाझेल्यांत आसा ?

(A) फॉरेन जांवय

(B) म्हारुख

(C) गळसरी

(D) भांगरसाळ

63. 'मीरा' ही कादंबरी बरोवपी हांतूतली कोण ?

(A) अपर्णा गारुडी

(B) सुजाता सिंगबाळ

(C) सोनीया सिरसाट

(D) दीपा मुरकुंडे

64. 'रवींद्रनाथाल्यो १०१ कविता' ह्या नावान रवींद्रनाथ टागोर हांच्या कवितांचो अणकार कोणे केला ?

(A) प्रकाश पाडगांवकार

(B) सुरेश आमोणकार

(C) मधव बोरकार

(D) नागेश करमली

65. हांतूतली खंयची साहित्यकृती नवलिका न्हय ?

(A) मोनीव्यथा

(B) शिला

(C) मोगऱ्यां आटी

(D) वज्राघात

66. 'जाग-भाग' हें नेमाळें केन्नासावन सुरु जालें ?

(A) 1956 (B) 1955

(C) 1951 (D) 1952

67. 'तेफळां घोस' हें पुस्तक हांतूतल्या कोणाचें ?

(A) सुधा आमोणकार

(B) सुमेधा कामत

(C) राजय पवार

(D) विनय सुर्लकार

68. 'पणजेच्या लोकांक लागतात ते जाती, काती, धर्म तांका लागतात' हें वाक्य खंयच्या लेखकाच्या बरपावळीतलें आसा ?

(A) दत्ता दामोदर नायक

(B) दत्ता नायक

(C) अ.ना. म्हांबरो

(D) दत्ता भिकाजी नायक

69. 'रोबोटीक वॉरफॅर' ह्या महाबळेश्वर सैल हांच्या कथेची पयली उजवाडणी केन्ना जाली ?

(A) 2009

(B) 2000

(C) 2007

(D) 2006

70. हांतुतली प्रकारांतरीत न जाल्ली साहित्यकृती खंयची ?

(A) दायज

(B) प्रेमजागर

(C) खाटकागेर एक रात

(D) खण खण माती

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकल दिल्ल्या प्रश्नांच्यो जापो बरयात

सर्व साधारण मानिल्लें आसा कीं एक भाशेंचे स्कंध जरी एक विशिश्ट मूळ भाशेपासून जल्माक येता तरी ताजे वयर प्रभाव अनेक तोंडी भाशेंचो आसू शकता, हे इतलेंची खरें. तशें पळयल्यार होन्लेलें द्विरागमन सिद्धांत किंवा तोंडी भाशेंचे मागधी-शौरसेनी ह्या गटांतुले विभाजन सुनीतीकुमार चटर्जी पूर्णपणान मान्य करनांची. तांगेले मतान खरे भाशेन जेन्नां आर्य भारतांनु आयले तेन्नां केवल दोन न्हंय तर अनेक गटांतु ते आयले. प्रत्येक पंगडाची तोंडी भाशा ही वेगळी अशीं आशिली. जाल्यार थोडे काळ उपरांत जेन्नां ऋग्वेदांचे ग्रांथिक रूपांतु संकलन जालें तेन्नां ह्या सर्व तोंडी भाशेंतुली एक भाशा प्रमाण ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं मानचांतु आयली. आनी ती आमकां ऋग्वेदांतुली संस्कृत भाशा ह्या रूपान दिसता, अशें मानन्हंय की ऋग्वैदिक भाशेंतु एक वैशिश्ट आशिल्लें. खरे पळयल्यार तांतु सर्व तोंडी भाशेंतुले खुणो दिसताची. आनी जरी पंजाब चे प्रदेशां तुले म्हळयार उदीच्या देशांतुले आर्यांली भाशांची वेदांची ग्रांथिक भाशा म्हण्णुं मानचांत आयली तरी त्या भाशेवयर त्या काळाचे अनेक तोंडी भाशांचे अवशेश दिसताले. इतलें कीं त्या सर्व भाशेंतु फरकापेक्षां साम्यची जास्त दिसतालें. त्या नियमानुसार कोंकणी भाशेंचे मूळ दिसून येंवचे शौरसेनींतु मागधी भाशा भेदांचे अवशेश बी दिसून येताची. आनी त्या खातीर जेन्नां आर्य भाशेंचे विभाजन भाशा तज्ञ करताची तेन्नां हें मूळ तत्व विसरनांची.

शौरसेनी-महाराष्ट्री प्राकृतापासून जेन्नां कोंकणी भाशेंचे मूळ सांगताची तेन्नां त्या भाशाविकासांतु मागधी, पाली आनी दुसरे भाशा विभेदांचो प्रभाव लक्षांतु धेवचें जरूर आसता. तशें पळयल्यार कोंकणी भाशेंतु कितले तरी शब्द असले आसाची जे संस्कृत किवा द्राविड भाशागटांतुले नासताना, तांचे मूळ मुंडारी किंवा प्रोटो-ऑस्ट्रलॉईड आनी सुमेरियन भाशेंतुल्यान आयल्याची. अुदारणः परब, वाटारो, धालो, मुसुड, दोळो इत्यादि.

तशें पळयल्यार भाशा मुख्यतः उलोवचांतु येता. जी उलोवचांतु येता तिकाची भाशा हें नांव. ताका लागून जर भाशेंच मूळ शोधचें आसा तर तें मनुश्याले तोंडी भाशेंतु शोधका, हें साहजिक. तोंडी भाशेंतु सतत जीवंतपण आसता, ग्रांथिक भाशेंतु न्हंय. खरे पळयल्यार तोंड हे एक यंत्राभाशेन आसा. ह्या यंत्रांतुल्यान व्यक्त जावची ध्वनीरूप भाशा जेन्नां अक्षरांतु प्रतिरूप पावता तेन्नां भाशेंचे जीवंतपणाक मर्यादित रूप प्राप्त जाता. गतिरूप आसचे भाशेंक स्थितीरूप अवस्था मेळटा. कोंकणी भाशेंक लिखित साहित्य विस्तारान नाशिल्यान ग्रांथिक भाशेंची स्थिरता तिका प्राप्त जाली ना, कृत्रिम संकुचित भाशा संपदा प्राप्त जाली ना. स्थान, जाती आनी काळ हांका लागून फरक तांतु दिसून आयले. समाजाचे, समाजशास्त्राचे गुणधर्म कोंकणींतु रुतून बसल्याची. ह्या नैसर्गिक बदलांचे व्यतिरिक्त अजून मूळ स्कंधाचे चिन्हं कोंकणींतु आसाची हें त्या भाशेंचे वैशिश्ठ म्हण्णुं मानका.

इतिहास, समाजशास्त्र आनी भाशाशास्त्र ह्या त्रिवेणी संगमाचे रूपसंपदेंतु कोंकणीचे भवितव्य आसा. ताजें आत्मसात करचें वा ना करचें हें कोंकणी लोकांले हातांतु आसा, इतरांले न्हंय.

**71.** सकयल दिल्ले खंयचें विधान चूक आसा ?

(A) आर्यांच्या पंगडाची तोंडी भाशा ही वेगळी आशिल्ली.

(B) ऋग्वेदांतुली संस्कृत भाशा ग्रांथिक रूपांतु आयली.

(C) ऋग्वैदिक भाशेंतु सर्व तोंडी भाशेंतुलेयाखुणो दिसनाशिल्यो.

(D) ऋग्वेदिक भाशेंतु एक वैशिश्ट नाशिल्लें.

**72.** उताऱ्याक खंयचो माथाळो योग्य दिसता ?

(A) कोंकणी भाशेची खाशेलताय.

(B) कोंकणी भास आनी आर्य भास

(C) कोंकणी चें अवस्थांतर

(D) मुंडारी आनी कोंकणी भास

**73.** कोंकणी भाशिक कृत्रिम संकुचित संपदा प्राप्त जाली ना. कारण

(A) कोंकणी भाशेंक लिखित साहित्य विस्तारान ना.

(B) ती स्थितीरूप आशिल्यान.

(C) स्थान, जाती आनी काळ हांका लागून फरक नाशिल्यान.

(D) ती गतिरूप नाशिल्यान.

**74.** वाटारो हो शब्द मूळ ________ भाशेंतलो आसा.

(A) शौरसेनी

(B) मागधी

(C) मुंडारी

(D) पाली

**75.** 'मागधी भाशेंतु संस्कृतजन्य शब्दांपेक्षां इतर शब्द जास्त मिसळले.' अशें बरोवपी कित्याक म्हण्टा ?

(A) मागधी भाशा उलयतल्यांलो प्रदेश मूळ आर्य वसाहतीपासून दूर आशिल्लो.

(B) मागधी भाशिंका वयर संस्कृत भाशेचो प्रभाव जास्त आशिल्लो.

(C) हिंदी, बिहारी, बंगाली या भासांनी जास्त संस्कृत जन्य शब्द आसतात.

(D) मागधीचे मूळ संस्कृतांतु मेळटा.

**Space For Rough Work**